# राजभास संचालनालयाचे 'भाशा पुरस्कार' आयज भेटयतले

ता. 4 मार्च 2024

राजभास संचालनालयान 2019-2020, 2020-2021 आनी 2021-2022 वर्सा खातीरचे भाशा पुरस्कार जाहीर केल्यात. हे पुरस्कांर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं आयज 5 मार्च 2024 दिसा सांजेच्या 5.00 वरांचेर बहुउद्देशीय सभाघर, संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा आयोजीत सुवाळ्यात भेटोवपात येतले.

राजभास संचालनालया वतीन भाशेच्या विकासा खातीर 'भाशा पुरस्कार येवजण ' राबोवपात येता. कोंकणी, मराठी आनी संस्कृत भाशेखातीर जीणभर काम करपी व्यक्तींक हो पुरस्कार दितात. अशां व्हड व्यक्तिमत्त्वांचो आदर्श लोकांमुखार दवरप आनी साहित्यिकांचो भोवमान करून तांणी भाशेंच्या वाडीखातीर केल्ल्या कार्याची दखल घेवप हो सरकारचो उद्देश आसा.

2019-2020 चो रवींद्र केळेकर कोंकणी भाशा पुरस्कार' श्री. पुंडलिक नारायण नाईक हांकां 'बी.डी. सातोस्कर मराठी भाशा पुरस्कार' श्री. उल्हास कुष्ट प्रभू देसाय आनी 'दुर्गाराम उपाध्ये संस्कृत भाशा पुरस्कार' श्री. लक्ष्मण कृष्णा पित्रे हांका भेटयतले.

2020-2021 चो रवींद्र केळेकर कोंकणी भाशा पुरस्कार' श्रीमती मीना सुरेश काकोडकर हांका, 'बी. डी सातोस्कर मराठी भाशा पुरस्कार' सोमनाथ दत्ता कोमरपंत हांका आनी 'दुर्गाराम उपाध्ये संस्कृत भाशा पुरस्कार' श्री. मनोहर दत्ताराम आमशेकर हांका भेटयतले.

2021-2022 चो रवींद्र केळेकर कोंकणी भाशा पुरस्कार' श्री. अशोक पांडुरंग भोंसले हांका, 'बी.डी. सातोस्कर मराठी भाशा पुरस्कार' श्री. गुरुदास सीताराम सावळ हांका भेटोवपात येतलो. संस्कृत भाशा पुरस्कारा खातीर नामांकन येवक नाशिल्ल्यान 2021-2022 चो संस्कृत भाशा पुरस्कार दिवचे नात.

रोख 1 लाख रूपया, शाल, सन्मानपत्र आनी यादस्तीक अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा.

पुरस्कार भेटवण सुवाळ्याक राजभास संचालनालयाचे सचीव श्री सरप्रीत सिंग गिल, राजभास संचालनालयाचे संचालक श्री राजू गावस, उपसंचालक श्री अनिल एच. सावंत आनी हेर मानेस्त उपस्थित रावतले.

उपरांत मानेस्तांच्या हस्तुकीं कु. संपदा कुंकळकर हांच्या " गीतार्थ , भगवद्गीतेचो आपरोस " आनी डॉ. हनुमंत चोपडेकर हांच्या " कोंकणी चळवळीचीं तीन पानां " ह्या पुस्तकांचे प्रकाशन जातले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/149

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.